गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय
सरकारी पत्रक

मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रम

ता. 12 सप्टेंबर 2019

वेंचणूक आयोगान सगळ्यां पात्र नागरिकांच्या नावांचो मतदार वळेरीत आस्पाव करून मतदार वळेरीची उजळणी करपा खातीर ता. 1 सप्टेंबर 2019 ते 15 ऑक्टोबर 2019 मेरेन मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रम सूरू केला.

मतदारांनी तालूका मामलेदार कार्यालयातल्या मतदांर सुविधां केंद्रांचेर वचून मतदांर वळेरीतल्या आपल्या तशेंच कुटुंबातल्या हेर मतदांर सदस्यांच्या नावांची तपासणी करची आनी आपले नाव मतदांर वळेरीत आशिल्ल्याची खात्री करून घेवची. तशेंच दुरूस्ती करपाची आसल्यार भारतीय पासपोर्ट, वाहन चालक परवानो, आधार कार्ड, सरकारी वळखपत्र, बँक पासबूक, शेतकरी वळखपत्र असो ग्राह्य दाखलो दाखोवन ती करून घेवची.

कसल्याय खुलाशाची गरज आसल्यार मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयात 1950 ह्या टॉल फ्री नंबरावयल्या संपर्क करचो वा ceo goa@eci.gov.in चेर ईमेल धाडचो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/569

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA